2 जूलय 2026 6.30 वरां

पीएम 110

भारत आनी जापानान अर्थिक आनी ऊर्जा संरक्षण , फार्मास्युटिकल्स , संरक्षण तशेंच ए.आय सयत वेगवेगळ्या मळांवेल्या करारांची देवाण घेवाण केली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज दनपरां नवी दिल्लींत जापानी समकक्ष सानाए ताकाइची हांचे वांग़डा वर्सुकी शिखर स्तरावेली चर्चा केली. हे शिखर परिशदे खातीर दोनीय वाटेंतल्या द्विपक्षीय सहकार्याच्या सगळ्या पैलूंचो नियाळ घेवपाक आनी ते अदीक घटमूट करपाक तशेंच परस्पर हिताच्या प्रादेशीक आनी जागतिक मुद्यांचेर चर्चा करपाची संद मेळ्ळी.
प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें, तंत्रगिज्ञान भागिदारी आमच्या सहयोगाचो सगळ्यांत घटमूट स्तंभ जातली. ह्याच व्हिजनाक साकार करपाक आयज एआयच्या मळार जोड विधान जारी केल्ल्याचें तांणी म्हळां.

जपानची प्रधानमंत्री भारताच्या तीन दिसांच्या भोंवडेर काल सांजवेळा नवी दिल्लींत पावली. प्रधानमंत्री ताकाइची हांचीं ही भारतांतली पयलीच अधिकृत भेट आसा.

शिवराज चौहान 100

विकसीत भारत- जी राम जी कायद्या प्रमाण खंयचोच गरीब कामगार कामा शिवाय उरचो ना हाची जतनाय घेतले अशें केंद्रीय ग्रामीण उदरगत आनी शेतकी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी म्हणलां.

विकसीत भारत – रोजगार आनी आजीविका मिशनाची हमी ग्रामीण व्हीबी-जी राम जी कायदो, 2025 हो रोजगार सुनिश्चीत करपाक, गांवगिऱ्या उदरनिर्वाहाक घटमूट करपाक आनी देशभरांतल्या गांवांचे उदरगतीक गती दिवपाक एक व्हड पावल आसा अशें मंत्री चौहान हांणी सांगलें.

केंद्रीय मंत्री शिवराज सिंह चौहान हांणी आंध्र प्रदेशाचे मुखेलमंत्री एन. चंद्राबाबू नायडू हांच्या वांगडा आयज आंध्र प्रदेशातल्या तिरुपती जिल्ह्यातल्या मुक्कावरीपल्ले गावात 'विकसीत भारत -G RAM G कायदो 2025' चो शुभारंभ केलो.

मॅटा 50

सरकारान भारतांत वॉट्सअपा वेल्या युजरनेम फिचराची सुरवात करपाच्या प्रकरणांतच मॅटाक नोटीस जारी केल्या.

सुत्रांच्या म्हणण्या प्रमाण इलॅक्ट्रोनिक्स आनी म्हायती प्रसारण मंत्रालयान हे संबंधीत सगळी म्हायती सरकाराक तीन दिसा भितर दिवची मॅटाक अशें सांगलां.

ह्या खाशेलपणाक लागून ऑनलायन फटवणूक, डिजिटल अटक घोटाळे आनी तोतयागिरीचे हल्ले वाडूं येतात असो हुस्को आशिल्ल्याचें सूत्रांनी म्हणलां.

<u>बाल पुरस्कार 90</u>

महिला आनी बाल उदरगत मंत्रालयान ५ ते १८ पिराय गटांतल्या भुरग्यांच्या असामान्य कामगिरीचो गौरव करपा खातीर प्रधानमंत्री राश्ट्रीय़ बाल पुरस्कार 2026 वर्सा खातीर नामांकना मागयल्यांत.

हे नामांकन अर्ज सादर करपाची 31 जुलय निमणी मुजत आसतली. हीं नामांकनां awards.gov.in.

ह्या पोर्टलाचेर भरचीं पडटलीं अशें मंत्रालयान म्हणलां.

खंयचोय नागरिक, शाळा, संस्था वा संघटना हे नामांकन अर्ज भरपाक शकता. भुरगीं तांचे स्व- नामांकना लेगीत भरपाक शकतात. खेळ, सामाजीक वावर, विज्ञान आनी तंत्रगिज्ञान, पर्यावरण, कला आनी संस्कृती मळार असामान्य वावर केल्ल्या भुरग्यांक हे पुरस्कार भेटयतले. तशेंच खर परिस्थितींत शौर्य दाखोवपी भुरग्यांक लेगीत हो पुरस्कार दितात.

पोट वेंचणुक 70

बिहारांतल्या बांकीपूर, मध्य प्रदेशांतल्या दतिया आनी गुजरातांतल्या मांजलपूर ह्या तीन विधानसभा मतदारसंघांचेर आयज पोट वेंचणुकेचें वेळापत्रक वेंचणूक आयोगान जाहीर केलें. मतदान 30 जुलयाक जातलें, आनी मत- मेजणी 3 ऑगस्टाक जातली.

भाजपाचे अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी राजिनामो दिल्ल्यान बांकीपूर मतदारसंघातलो जागो रितो जाल्लो. जाल्यार काँग्रेसीचे आमदार राजेंद्र भारती अपात्र थारिल्ल्यान दतिया मतदारसंघातलो जागो रितो जाल्लो. ते भायर भाजपा आमदार योगेशभाई नारंदास पटेल हांच्या निधनाक लागून मंजलपूर मतदारसंघातलो जागो रितो जाल्लो.